Akashvani Panaji 25 March 2025 Regional news 7.25 am

ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखेक जावपी आकाशवाणीचेर मान की बात कार्यावळी खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नागरिकांकडल्यान सुचोवनयो मागल्यात . म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो हो 120वो भाग आसतलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्री  मोदी हांणी ह्या म्हयन्याच्या मान की बाता खातीर सगळ्यांचे विचार  मेळिल्ल्यान खोशी उक्तायल्या.  हयो सुचोवनयो  समाजाच्या  बऱ्या खातीर सामुहीक यत्नांची शक्त उजवाडाक हाडटात अशे तांणी सांगलें.लोकांनी ह्या कार्यावळी खातीर आपलीं कल्पना आनी सुचोवण्यो टोल फ्री क्रमांक 1800-11-7800 वरवीं सादर करूं येतात. तशेंच नरेंद्र मोदी ॲप वा मायगॉव ओपन फोरम वरवीं आपलें मत ऑनलायन वांटून घेवंक शकतात. येवपी एपिसोडा खातीर सुचोवण्यो ह्या म्हयन्याच्या 28 तारखे मेरेन मान्य जातल्यो.आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, एअर न्यूज संकेतथळार, न्यूजऑनएअर मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच एअर न्यूज, डीडी न्यूज, पीएमओ, आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट

**प्रसारण जातले . आकाशवाणी हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडोच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली .**

---

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय जीएसटी दुरूस्ती विधेयक, गोंय खासगी विद्यापीठ दुरूस्ती विधेयक, गोंय राज्य संशोधन फाउंडेशन दुरूस्ती विधेयक सभाघरात सादर केले. पंचायतमंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी गोंय पंचायतराज दुरूस्ती विधेयक सादर केले. तशेच गोंय होमीओपथी कौन्सील दुरूस्ती विधेयक सभाघरात सादर जाले. खासगी कंपन्यांक नोकरे खातीरच्च्यो जागो अधीसूचीत करपाची सक्ती आशिल्ले विधेयक केंद्रीय कायद्याचो भंग करपी आसा. असो दावो करीत आमदार कार्लोस फरेरा हांणी हे विधेयक मांडपाक विरोध केलो. हाचेर चर्चा करपाचे उतार दीत मजुर आनी रोजगार खात्याचे मंत्री बाबूश मोन्सेरात हांणी हे विधेयक सादर केले. खासगी कंपन्यांक नोकरेच्या जागो अधिसूचीत करपाची तजवीज आशिल्लो केंद्रीय कायदो आसा. हे विधेयक केंद्रीय कायद्याचो भंग करपी थारतले. हाका लागून विधेयक मांडप योग्य जावचे ना, अशें हे

वेळार काँग्रेस आमदार कार्लोस फरेरा हांणी स्पश्ट केले. नोकर भरतीची जायरात वा अधीसूचना जारी केली ना जाल्यार कामगारांच्या आकड्याप्रमाण दंडाची तजवीज विधेयकात आसा. पयल्या गुन्यावा खातीर ५ हजार ते २० हजार रूपयामेरेन तजवीज आसा. दुसऱ्या गुन्यावा खातीर १० हजार ते २५ हजार मेरेन आनी तिसऱ्या गुन्यावा खातीर १५ हजार ते ३० हजार रूपया मेरेन दंडाची तजवीज आसा.

---

राष्ट्रिय सुरक्षेच्या संदर्भात थाळाव्या लोकांमदी जागृताय निर्माण करपा खातीर ९ राज्यांची सायकली वेल्यान भोंवडी करपी कैंद्रीय उद्योगिक राखणें बळाच्या जवानांक आयज फांतोडेर मुरगावां येवकार दिलो.गुजरातच्यान भायर सरिल्ले कैंद्रीय उद्योगिक राखणें बळाचे देडशे जवान वट्ट २५ दिसां भितर ९ राज्यांक भेंट दिवपाचे आसा. सुमार ५०० कि.मी. इतलो तांचो हो प्रवास आसतलो. मुरगांवा पावले तेन्ना पंचायत मंत्री माविन गुदीनो हाणें तांका येवकार दिलो. ह्यावेळार तांचे बरोबर मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकर, तशेंच वास्कोचो आमदार दाजी साळकार

हाजीर आसलो. ह्यावेळार उलयताना मंत्री गुदीनो हाणें म्हळा, की आपणाल्या भोंवडेन हे जवान थाळाव्या लोकां मेरेन वचून तांचे विचार जाणा जावन घेवपाचो यत्न करतले तशेंच सुरक्षेच्या संबंदान ताका म्हायती दितले म्हणपाची दिली.

---

फाटल्या चार वर्सांत राज्यांत येवपी ८०० व्हीआयपी आनी व्हीव्हीआयपी सोयऱ्यांचेर गोंय सरकारान सुमार ७.८९ कोटी खर्च केल्यात. सगळ्यात चड खर्च वर्स २०२२ त करून २.८६ कोटी सरकारान मोडल्यात. तांची रावपाची, जेवणाची आनी भोंवपाची सोय करपा खातीर सरकाराक खर्च आयलां, अशी म्हायती शिष्टाचार खात्यान दिल्या.विधानसभेत केपेंचे आमदार एल्टन डिकोस्टा हांणी विचारिल्ल्या प्रश्नाक लेखी जाप दितना शिष्टाचार मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी ही म्हायती दिली. गोंयांक भेट दिवपी व्हीआयपी सोयरे देखीक केंद्रीय मंत्री, राज्य मंत्री, सरकारी अधिकारी आनी हेर राज्यांतले मंत्री, आमदार आनी सोयरे हांचो आस्पाव आसा. तांचे भेटी वेळार तांचे सेवेत

दिल्ले अधिकारी, गाडयो, रावपाची आनी जेवणाचे सोयीचेर फाटल्या चार वर्सांत ७,८९,२५,७२७ इतलो खर्च आयला.फाटल्या चार वर्सांत ८०७ सोयऱ्यांमदले वर्स २०२० त जानेवारी ते डिसेंबर मजगतीं ५७ सोयरे गोंया पावले.

---